आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date : 28/11/2025 6.30 PM

राष्ट्रीय खबरो

राष्ट्रपती ५०/८५

समाजाक चड समावेशी, शांती, भलायकेन भरिल्लो आनी मुल्यांचेर आदारिल्लो करपा खातीर भारत सरकार जायतीं पावलां उबारता अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलें. ब्रह्म कुमारींच्या वर्सुकी 'मेडिटेशन फॉर ग्लोबल युनिटी अँड ट्रस्ट' ह्या कार्यावळीच्या उक्तावण सुवाळयांत त्यो उलयताल्यो

उपरांत ताणी लखनौ हांगा जाल्ल्या भारत स्काऊट आनी गाईड्सच्या हीरक महोत्सवी समारोप सुवाळ्यात वाटो घेतलो

Pm 70

श्री संस्थान गोकर्ण पर्तगाळ जिवोत्तम मठाच्या 550व्या वर्सपूर्ती निमतान आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी 77 फूट उंचायेच्या श्रीरामाच्या पुतळयाचे अनावरण केले तशेच खाशेले टपाल तिकिट आणि स्मारक नाणे जारी केले.)

ताचे पयली ताणी कर्नाटक उडुपीतल्या श्रीकृष्ण मठाक भेट दिवन प्रार्थना केली आनी लक्ष कंठ गीता पारायण कार्यावळींत वांटो घेतलो . तशेंच कृष्ण गर्भगृहा मुखार आशील्ल्या सुवर्ण तीर्थ मंडपाचें उक्तावण केंले आनी कनकादासाच्या पवित्र जनेलाक कनक कवच समर्पित केंले.

राजनाथ सिंग 55

आयज भारत संवसारीक विचारमंथनाक दिका दाखवपाचे काम करता, भारत-पॅसिफिक आनी ग्लोबल साऊथ देश भारताक एक विस्वासपात्र भागीदार म्हूण पळयतात अशें संरक्षणमंत्री राजनाथ सिंग हाणी म्हणलां. ताणी आयज चाणक्य संरक्षण संवाद कार्यावळीत उलोवोप केलें.

भारतान सदांच शांतताय आनी संवादाचेर विस्वास दवरलाअशें तांणी सांगलें.

पीयूष गोयल 95

कितल्याशाच देशां वांगडा केल्ल्या मुक्त वेपार कबलातिक लागून देशांत वेवसाय आनी गुंतवणूक वाडपाक मजत जाल्या अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलां. आयज नवी

दिल्लींत जाल्ले FICCIच्या 98वे वर्सुकी सादारण बसकेंत ताणी उलोवप केलें,. भारत हे संबंदी अमेरिके सयत 14 गटदेशां वांगडा उलोवणी करता. जागतीक कंपनींनी भारतांत 100 अब्ज डॉलर गुंतवणूक केल्या हाचेर भर दिवन ताणी संशोधन आनी उदरगतीची घटमूट चौकटी आनी उद्देगीक सहभागाचो उलो मारलो .मजगती प्रस्तावीत युगे युगेन भारत संग्रहालयासयत संस्कृती आनी पर्यटन संबंदीत प्रकल्पां खातीर अर्थसंकल्प वाडोवपा खातीर सरकार वावुरता अशें संस्कृती आनी पर्यटन मंत्री गजेंद्र सिंग शेखावत हांणी ह्यावेलार सांगलें.

सीआर पाटील 40

जल जीवन मोहिमेवरवी देशभरांतल्या 15 कोटी गांवगि्ऱ्या घरांक उदकाची जोडणी मेळ्ळया अशि म्हायती जल शक्ति मंत्री सीआर पाटील हांणी दिली. नवी दिल्लींत सुजालम भारत शिखर सभेक संबोधीत करतना ताणी दरेका नागरिकाक उदकाची टिकावू सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करपा खातीर सरकाराची वचनबद्धताय परतून उच्चायली.

20

रशियेचो अध्यक्ष व्लादिमीर पुतीन फुडल्या म्हयन्याच्या चार तारखेकच 23व्या भारत-रशिया वर्सुकी शिखर सभेखातीर दोन दिसांच्या भारत भोंवडेर येतले. ह्या वेळार ते प्रधानमंत्री मोदी वांगडा उलोवणी करतले .

हवामान ४०

बंगालच्या वायव्य खाडींत तयार जाल्लो दित्वा चक्रीवाद लाक लागून देशाच्या उदेंत दर्यादिगेवेल्या वाठारांनी 1 डिसेंबर मेरेन उतांगराचो पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उच्चायला. सोमारा मेरेन ह्या वाठारांतल्या नुस्तेमारांनि दर्यांत वचे न्ही अशे खात्यान सांगला. मजगतीं, दिल्ली-एनसीआरांत हवेचो दर्जो सामकोच वाईट शेणीत आस.

स्पोर्ट्स 25

आयज गुजरातात, एएफसी १७वर्सा पिराय सकयल्ल्या आशियाई कप सौदी अरेबिया २०२६ पात्रताय फेरीयेच्या गट डीच्या खेळात भारत लेबनॉन पंगडा आड खेळतलो.हो खेळ सांजे साडेसात वरांचेर सुरू जातलो.